11th May 2026

8.40am

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज 'सोमनाथ अमृत पर्व-2026' उत्सवात वांटो घेतले.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी हुंवार आनी उश्णताय ल्हारांक, तोंड दिवपा खातीर, देशाच्या तयारेचो नियाळ घेतलो.
- अस्तंत बंगालचे मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी आयज, राज्य सचिवालयांत मंत्रीमंडळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.
- आयपीएल क्रिकेटात आयज धर्मशालात, सांजे 7:30 वरांचेर, पंजाब किंग्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स आड खेळ जातलो.
- भारतीय हवामान खात्यान, गुजरात आनी राजस्थानाच्या कांय वाठारांनी आयज, उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला.

पीएम ज्योतिर्लिंग -

पयले ज्योतिर्लिंग सोमनाथ महादेव देवळाच्या पुनर्बांदणेक, 75 वर्सां पुराय जाल्ल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज 'सोमनाथ अमृत पर्व-2026' उत्सवात वांटो घेतले. प्रधानमंत्री मोदी सोमनाथ देवाची पूजा करतले, कुंभा-भिषेक विधी करतले आनी उपरांत, भौशीक मेळाव्यांत उलोवप करतले. ह्यावेळार रोडशोचे आयोजन

केला. ह्या निमतान मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल आनी उपमुख्यमंत्री हर्ष संघवी लेगीत हाजीर आसतले.

PM Hyderabad -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल, हैदराबादच्या परेड मैदानाचेर एका सभेत उलोवप केलें. राज्यभरांतल्यान आयिल्ल्या हजारांनी समर्थकांकडेन उलयतना मोदी हांणी आपल्या उलोवपाची सुरवात, तेलगु भाशेन केली आनी लोकांक येवकार दिवन, तांच्या उत्साहाचें कौतूक केलें.

हेर राज्यांतल्या राजकी घडामोडींची आनी तेलंगणाची परिस्थिती, हांची तुळा प्रधानमंत्री मोदी हांणी केली आनी देशभरांतले लोक, भाजपाच्या उदरगत आनी शासनाच्या मॉडेलाचेर चडांत चड विस्वास दवरतात, अशें सांगलें. आसाम आनी पुडुचेरी ह्या राज्यांतल्या पक्षाच्या कामगिरीचो उल्लेख तांणी केलो आनी अस्तंत बंगालांत भाजपाचो उदय, हो एक म्हत्वाचो लोकशाय बदल आसा, अशे सांगले.

विरोधकांचेर टीका करताना, मोदीं हाणी काँग्रेसचेर भ्रष्टाचार, घराणेशाही आनी संस्थांचो गैरवापर केल्ल्याचो आरोप केलो. आपल्या ह्या दौऱ्यांत तांणी ९ हजार ४०० कोटी रुपयांच्या विकास प्रकल्पांचें उक्तावण केलें. हातूंत जहिराबाद इंडस्ट्रियल एरिया आनी वरंगलच्या 'पीएम मित्रा' टेक्स-टाईल पार्काचो आस्पाव आसा, जाका

लागून रोजगाराक चालना मेळटली आनी कापूस उत्पादक शेतकऱ्यांक आदार मेळटलो.

ह्या कार्यावळीक तेलंगना भाजपाचे मुखेली एन. रामचंद्र राव, केंद्रीय मंत्री जी. किशन रेड्डी आनी बांदी संजय कुमार, तशेंच खासदार, आमदार, आनी हेर पक्ष फुडारी, अशे जायते वरिश्ठ भाजप फुडारी हाजीर आशिल्ले.

HM Review meet –

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी काल, संभाव्य हुंवार आनी उश्णताय ल्हारांक, व्यापक रितीन तोंड दिवपा खातीर, देशाची तयारी कशी आसा, हाचो नियाळ घेतलो. नवी दिल्लींत जाल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळतना शाह हाणी सांगलें, कि केंद्र आनी राज्य ह्या दोनूय पांवड्यार हुंवाराच्या अदमासा खातीर एकत्रीत पद्दत आसपाक जाय. न्हंयांचेर 'चेक डॅम' बांदून उदकाचें संवर्धन करप आनी उश्णतेच्या ल्हाराचो प्रभाव उणो करप, हें आपलें उद्दिश्ट आसूंक जाय. उश्णताय ल्हारांक लागून शेतकी क्षेत्राक उण्यांत उणें लुकसाण जावचें, हे खातीर यत्न करचे पडटले, हांचेर तांणी भर दिलो. देशांतल्या दरेका राज्यांत हुंवार संकश्ट वेवस्थापन पंगड घडोवन हाडून, सक्रिय करपाक जाय, अशेंय अशें मंत्री शाह हाणी सांगले. ह्या बसकेक केंद्रीय जलशक्ती मंत्री सी. आर. पाटील, केंद्रीय गृह सचीव, विंगड विंगड मंत्रालयांचे सचीव आनी वरिष्ठ

अधिकारी, NDMA चे विभाग प्रमुख, NDRF चे महासंचालक, भारतीय हवामान खात्याचे आनी हेर संबंदीत खात्यांचे फुडारी हाजीर आशिल्ले.

WB Adhikari -

अस्तंत बंगालचे मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी आयज, नबन्ना हांगाच्या राज्य सचिवालयांत मंत्रीमंडळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. शेनवारा ब्रिगेड परेड मैदानाचेर मुख्यमंत्र्या वांगडा, पदाचो आनी गोपनीयतेचो सोपूत घेतिल्ल्या, पांच मंत्र्यां मदीं पोर्टफोलियो वांटपाची आस्त आसा. तशेच नव्या मंत्रीमंडळांत भाजपाच्या वेंचणुकेच्या आश्वासनांचेर, चर्चा जावपाची शक्यताय आसा. नव्यान वेंचून आयिल्ले आमदारूय बसकेक हाजीर रावपाचे आसात. आयज सकाळीं 11 वरांचेर मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांकां, गार्ड ऑफ ऑनर दितले आनी उपरांत मंत्रीमंडळ बसका जातली.

UP -

उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी काल आपल्या मंत्रिमंडळाचो विस्तार केलो. भारतीय जनता पक्षाच्या ६ फुडाऱ्यांनी मंत्री म्हणून, सोपूत घेतलो. तशेंच, दोन राज्यमंत्र्यांची बढती करून,

तांकां स्वतंत्र प्रभार दिलो. लखनौंतल्या जन भवनांत जाल्ल्या एका सुवाळ्यांत, राज्यपाल आनंदीबेन पटेल हांणी ह्या नव्या मंत्र्यांक पद आनी गोपनीयतेचो सोपूत दिलो.

MP Cheetah –

मध्य प्रदेशाचे मुख्यमंत्री डॉ. मोहन यादव आज, कुनो नॅशनल पार्कांत दोन चित्त्यांक सोडटले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, सप्टेंबर २०२२त नामिबियांतल्यान हाडिल्ल्या, आठ चित्त्यांक कुनो नॅशनल पार्कांत सोडून 'प्रोजेक्ट चित्ता' सुरू केल्लो. एका खंडांतल्यान दुसऱ्या खंडांत, स्थलांतर करपाचो हो जगांतलो पयलोच प्रकल्प आशिल्लो. त्या उपरांत, २०२३त दक्षिण आफ्रिकेसावन १२ चित्ते आनी ह्या वर्सा फेब्रुवारी म्हयन्यांत, बोत्सवानासावन आनीक णव चित्ते भारतांत हाडले. तेन्नासावन कुनो राश्ट्रीय उद्यानांत, म्हत्वाची उदरगत जाल्या. मार्च २०२३त 'ज्वाला' ह्या मादी चित्त्यान, ७० वर्सां उपरांत, भारतांतल्या पयल्या चित्त्याच्या पिलांक जल्म दिलो. आतां मेरेन, भारतांत ३७ परस चड पिलां जल्माक आयल्यांत, जाका लागून कुनोतल्या चित्त्यांची, वट्ट संख्या सत्तावनाचेर पावल्या. नोव्हेंबर २०२५त, भारतांत जल्माक आयिल्ल्या 'मुखी' ह्या चित्त्यान, पिलांक जल्म दिलो, जो ह्या प्रकल्पांतलो एक व्हड मार्गदर्शक फातर थारलो.

TN-POLITICS -

तमिळनाडूचे मुख्यमंत्री जोसेफ विजय हांणी काल चेन्नयांत, राज्यांतल्या कायदो आनी सुवेवस्था परिस्थितीचेर वरिश्ठ सरकारी अधिकाऱ्यां वांगडा बसका घेतली. तांकां वेगवेगळ्या खात्यांतल्या अधिकाऱ्यांनी सध्याचे परिस्थितीची म्हायती दिली. विजय हांणी, त्रिची इस्ट मतदारसंघाचे वेंचून आयिल्ले वांगडी म्हणून, आपलो राजीनामो, विधानसभेचे सचीव सुब्रमण्यन हांकां सादर केलो. 'टीव्हीके' मुखेल्यान, फाटल्या विधानसभा वेंचणुकेत पेरांबूर आनी त्रिची इस्ट अशा दोनूय सुवातींनी जैत मेळयल्लें. आयज सावन राज्याची विधानसभा सुरू जातली, ते खातीर डी.एम.के विधीमंडळ पक्षाच्या वांगड्यांची, पक्षप्रमुख एम. के. स्टालिन हांच्या फुडारपणा खाला बसका जाली. उदयनिधी स्टालिन हांची विधीमंडळ पक्ष फुडारी म्हणून नियुक्ती जाली, जाल्यार के. एन. नेहरू हांची उप फुडारी आनी ए. व्ही. वेलू हांची पक्षाचे प्रतोद म्हणून निवड जाली. विधानसभेंत डीएमकेचे वट्ट ५९ वांगडी आसात.

IPL -

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं, रायपूरांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून मुंबय इंडियन्साक दोन विकेटींनी हारयलो. पयली फलंदाजी करपी, मुंबय इंडियन्सान निर्धारित 20 ओव्हरींनी सात विकेटी व्हगडावन, वट्ट 166 धांवड्यो केल्यो. तिलक वर्मान 42 बॉलांनी 57 धांवड्यो

केल्यो. बेंगळुरा खातीर भुवनेश्वर कुमारान, चार विकेटी मेळयल्यो. ताका जाप दितना, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून आठ गडे व्हगडावन हे लक्ष्य साध्य केले. भुवनेश्वर कुमाराक Player of the Match म्हूण जाहीर केलो. ताचे आदीं दुसरे मॅचींत चेन्नय सुपर किंग्सान, लखनौ सुपर जायंटसाक 5 विकेटींनी हारयलो. मजगती, आयज आयपीएलांत पंजाब किंग्स, दिल्ली कॅपिटल्स आड खेळटले. ही मॅच धर्मशालात, सांजे 7:30 वरांचेर सुरू जातली.

आयएमडी हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान, गुजरात आनी राजस्थानाच्या कांय वाठारांनी आयज, उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. फुडले 3 ते 4 दिस ह्या वाठारांनी उश्णताय ल्हारांची स्थिती कायम उरतली. कोंकण आनी गोंयात, दिसांचे, कांय सुवातींनी उश्ण आनी दमट हवामान तिगून उरपाची शक्यताय आसा. तशेंच आसाम, मेघालय, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत, आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला. जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब हांगा आयज गडगड आनी जोगला पडपाची शक्यताय आसा. आयज राजस्थानांतल्या काय सुवातींनी, धुल्लाचे वादळ येतले, अशेंय हवामान खात्यान सांगलें.

कळोवणी -

ही आसा एक कळोवणी. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागावरर्वी, कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा निवेदक घेवपाचे आसात, ते खातीर अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आस्पाक जाय. पिराय २१ ते 50 वर्सां, कोंकणी भाषेचे आनी अनुवाद करपाचे गिन्यान आसप, गरजेचे आसा. इच्छुक उमेदवारानी १७ मे २०२६ मरेन अर्ज कारचो, अशे कळीत केला.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज 'सोमनाथ अमृत पर्व-2026' उत्सवात वांटो घेतले.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी हुंवार आनी उश्णताय ल्हारांक, तोंड दिवपा खातीर, देशाच्या तयारेचो नियाळ घेतलो.
- अस्तंत बंगालचे मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी आयज, राज्य सचिवालयांत मंत्रीमंडळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.
- आयपीएल क्रिकेटात आयज धर्मशालात, सांजे 7:30 वरांचेर, पंजाब किंग्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स आड खेळ जातलो.
- भारतीय हवामान खात्यान, गुजरात आनी राजस्थानाच्या कांय वाठारांनी आयज, उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!